९ विधेयकां संमत

गरज पडल्यार वकील सुरक्षा विधेयकात हे फुडें दुरूस्ती करपाची सरकारची तयारी आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. विरोधकांनी वकील सुरक्षा विधेयकाक हरकत घेवपी बरेच मुद्दे मांडले. हाचे उपरांत  मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हे निवेदन केले. गोंय वकील सुरक्षा विधेयका सयत ९ विधेयकांक मान्यताय दिली.

सगळ्या विधेयकांचेर बरोच तेप चर्चा जाली. खासगी विद्यापीठ दुरूस्ती विधेयक सोडून हेर ९ विधेयकां सभाघरात संमत जाली.

सभाघरात मंगळारा गोंय जीएसटी दुरूस्ती विधेयक २०२६, गोंय नोंदणी विधेयक २०२६, गोंय वकील सुरक्षा विधेयक, गोंय तुरूंग आनी दुरूस्ती सेवा विधेयक, बायलां आनी बाल कल्याण दुरूस्ती, गोंय वैजकी सेवा संस्था दुरूस्ती, गोंय नगरपालिका दुरूस्ती, गोंय मोटारवाहन दुरूस्ती विधेयक आनी स्टॅम्प दुरूस्ती विधेयक २०२६ मान्यताय दिली.

सादर जाल्ले खासगी विद्यापीठ दुरूस्ती विधेयक सरकारान फांटी घेतले.

नोंदणी विधेयक – ७०

मालमत्ता नोंदणी खातीर डिजीटल फिंगर प्रिंट लोड करपाविशी काँग्रेस आमदार कार्लूस फेरेरा हांणी मांडिल्ली दुरूस्ती न्हंयकारून गोंय नोंदणी दुरूस्ती विधेयक सभाघरात संमत जालें. ऑनलायन नोंदणी खातीर कायद्यात बदल करपा खातीर हे विधेयक हाडला, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. विधेयक चिकित्सा समितीकडेन धाडपाची मागणी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी केली. विजय सरदेसाय, वेंझी व्हिएगस, वीरेश बोरकार हांणी विधेयक संमत करपाक विरोध केलो. भाजपाचे आमदार नीलेश काब्राल हांणी लेगीत विधेयकाचेर सुचोवण्यो केल्यो.

Dhangar ST Reservation CM/Vijai – 100

धनगर समाजाक आदिवासी समाजात आसपावन घेवचे, तशेच भंडारी समाजाक ओबीसीत, कोटा विथिन कोटा दिवचो, अशी मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी आयज, शुन्य वराक केली. आदिवासी समाजाचो राजकीय राखीवतेचो प्रस्न सुटावो जाला. मात, ह्या राखीवतेत धनगार समाजाक आसपावन घेवपाची गरज आसा, अशे सरदेसाय हांणी म्हळे. तांच्या ह्या मगणेक जाप दितना, मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, धनगर समाजाक आदिवासी समाजाच्या वळेरेत आसपावन घेवपाचे काम सुरु आसा, अशे सांगले. तशेच ओबीसीचे प्रस्न सुटावे करपाक, मागास वर्गीय आयोगाकडेन प्रक्रिया सुरु जाल्या, अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी दिली.

CM Goa Crime/ Viresh Yuri - 220

राज्यात खुन करपाचे गुन्याव, बायलांचेर तशेंच भुरग्यावीशी गुन्याव, सायबर क्रायम, घुवळी वखदांच्या वेव्हारात वाड जाल्या. तशेच पैशांची फसवणुक, जुगार सारखे गुन्याव लेगीत वाडल्यात. देखुन, हे फांटभुयेर गोंयचो कायदो आनी सुवेवस्था पेड्यार जाल्या, असो आरोप करीत, हो प्रस्न सुटावो करपाक गृह खाते, कशा पद्धतीन काम करता, असो प्रस्न आमदार विरेश बोरकार हांणी मुखेलमंत्री तशेंच गृहमंत्री प्रमोद सावंत हांका, प्रस्न आनी जापेच्या वराक केलो. गोंयात जावपी 90% गुन्हे करपा फाटल्यान, बिगर गोंयकारांचो हात आसा. चोरी, घरफोडी, आनी हेर गुन्ह्यावांनी बिगर गोंयकारांचो चड आसपाव आसा, अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी, बोरकार हांच्या प्रस्नाक जाप दितना सांगले. अशा गुन्यावकारांक अटक करून, तांचेर कारवाय केला, काय जाणाचेर कारवाय सूरू आसा. गुन्ह्याव करप्याचेर गृह खाते कडक कारवाय करता, अशे मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. तशेच नागरीकांनी mobile banking, cyber crime वीशी सादुर रावचे, अशेय आवाहन मुखेलमंत्र्यानी केला.

ईसीआय Conference – 100

तळागाळांत वेंचणुक प्रक्रिया घटमूट करपा खातीर, फाल्या 2 आनी 3 सप्टेंबराक, मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला, उंचेल्या पांवड्यावेलें शिश्टमंडळ गोंयांत येतलें. मडगाव रवींद्र भवनांत जावपी ह्या दोन दिसांच्या प्रादेशिक कार्यावळींत, वेंचणूक प्रक्रिया चड सोपी, प्रभावी आनी पारदर्शक करपा खातीर, 2 सप्टेंबराक बूथ पावड्यावेल्या अधिकाऱ्यां कडेन संवाद सादतले. जाल्यार, 3 सप्टेंबराक वेंचणूक साक्षरता क्लब आनी ईसीआय हांचे विशीं ह्या परिशदेत मतदार जागृताय आनी डिजिटल उपक्रमांचेर तरणाटे आनी भागधारकांकडेन चर्चा करतले.

हवामान – 50

गोंयभर चडशा वाठारांनी, मध्यम ते हलको प्रमाणात पावस पडला. दाबोळे, केपे वाठारांत मध्यम जाल्यार म्हापशा, फोण्या वाठारांत कमी प्रमाणात पावसाची नोंद जाल्या. वेधशाळेvन दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, पणजीत चडान चड तापमान ३२ अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान २६ अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला. हेर कसली शिटकावणी, वेधशाळेन दिवंक ना.